Panaji

Regional News

19.6.2026 7.20 pm

मुखेल खबरो

1. फिट इंडिया चळवळी खाला आपूण आपल्या नित्यनेमाचो एक भाग म्हूण दर दिसा योग करता अशें मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.

2. गोंय आयुर्वेद आनी योग निरोगीपण धोरण 2026, गुंतवणूक आकर्शीत करून, नोकऱ्यांच्यो संदी निर्माण करून, आनी जागतीक निरोगीपण गंतव्य म्हूण गोंयची सुवात घटमूट करून राज्यांतल्या wellness पर्यटनाक चालना दितले अशें मुखेलमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.

3. भारतीय जनता पक्षाच्या राज्य कार्यकारिणीची बसका फाल्या शनवारा पणजेत जाता.

4. सध्या गोंयच्या उदका सांठ्यांत उण्यांत उणी एक म्हयनो मागणी पुराय करपा इतलो सांठो आसा अशें खात्याचे पिवपाचे उदकाचे मंत्री सुभाष फळदेसाय हांणी सांगलें.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखाला फिट इंडिया चळवळ सुरू केला.ह्या चळवळी खाला आपूण आपल्या नित्यनेमाचो एक भाग म्हूण दर दिसा योग करता अशें मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. योगान ताका वर्सां वर्सां शिस्तबद्ध, लक्ष केंद्रीत आनी समतोल दवरपाक मजत केल्या अशें तांणी सांगलें. आंतरराष्ट्रीय योग दीस 21 जून 2026 लागीं पावता तेन्ना मुख्यमंत्र्यान सगल्या गोंयकारांक योगाची दिसपट्टी पद्दत आपणावची असो उलो मारला. नेमान योग करून बऱ्या भलायकेन, सुखी आनी फिट गोंय घडोवपाक नागरिकांनी एकठांय येवपाचें आवाहन तांणी केलें.

गोंय आयुर्वेद आनी योग निरोगीपण धोरण 2026 गुंतवणूक आकर्शीत करून, नोकऱ्यांच्यो संदी निर्माण करून, आनी जागतीक निरोगीपण गंतव्य म्हूण गोंयची सुवात घटमूट करून राज्यांतल्या wellness पर्यटनाक चालना दितले अशें मुखेलमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. तशेंच आयुर्वेद आनी समग्र भलायकी सेवा भौशीक भलायकी वेवस्थेंत एकठांय करपाच्या राज्य सरकारान केल्ल्या यत्नांचेर तांणी भर दिलो.

प्रतिबंधात्मक भलायकी जतनाय, जाण्ट्यांची जतनाय, पुनर्वसन, आनी एकंदर समुदाय निरोगीपण हातूंत आयुर्वेदाची म्हत्वाची भुमिका आसा अशें मुखेलमत्र्यान  सांगलें. ताणी फुडें जाहीर केलें की, सरकार आयुष सेवांचो विस्तार करप, निरोगीपणाचेर आदारिल्ली भलायकी सेवा घटमूट करप, आनी गोंयभरांतल्या समग्र भलायकी पद्दतीं विशीं लोकांची जागृताय वाडोवपाचेर  सरकार लक्ष केंद्रीत करतलें.

भारतीय जनता पक्षाच्या राज्य कार्यकारिणीची बसका फाल्या पणजेत जाता. केंद्रीय म्हायती प्रसारण राज्यमंत्री एल. मुरूगन हे बसकेक मार्गदर्शन करतलें. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, प्रदेश अध्यक्ष दामू नायक, मंत्री, आमदार हांचे सयत राज्य कार्यकारिणीचे वांगडी बसकेक हाजीर आसतलें.

मंत्री, आमदारांच्या बसके उपरान मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत तशेच प्रदेश अध्यक्ष दामू नायक हे दिल्ली वोचून आयल्या. प्रदेश अध्यक्षांनी येत्या वेंचणुके खातीरचो रोडमॅप राष्ट्रीय सरचिटणीस बी. एल. संतोष हांका सादर केला. हे उपरान फाल्या राज्य कार्यकारिणी बसका जाता.

राष्ट्रीय अध्यक्ष म्हूण नितीन नबीन हांणी ताबो घेतले उपरान ही पयलीच राज्य कार्य/कारिणीची बसका जाता. केंद्रीय मंत्री एल. मुरूगन हे बसकेक हाजीर रावतलें. आगामी वेंचणुकेविशी बसकेत चर्चा जातलीच. हे भायर हेर बरेच विशय आसा. केंद्रातल्या भाजप सरकाराक 12 वर्सां पुराय जाल्या. ह्या 12 वर्सांत केंद्र सरकारान लागू केल्ल्यो येवजण्यो तशेच हेर कामांची म्हायती लोकांमेरेन पावोपाची गरज आसा, अशी म्हायती प्रदेश भाजप अध्यक्ष दामू नायक हांणी दिली.

सध्या गोंयच्या उदका सांठ्यांत उण्यांत उणी एक म्हयनो मागणी पुराय करपा इतलो  सांठो आसा अशें खात्याचे पिवपाचे उदकाचे मंत्री सुभाष फळदेसाय हांणी सांगलें. गोंय उदकास्तोत आनी  पिवपाच्या उदकाचे खाते 15 दिसांनी आनीक एक नियाळ बसका घेवन परिस्थितीचें मुल्यांकन करतले अशें तांणी सांगलें. राज्यांतल्या खंयच्याच वाठारांतल्यान आतां मेरेन उदकाच्या उणावाची कागाळ मेळूंक ना, आनी सरकारान गोंयांत खंयच उदकाचे टँकर घालपाची गरज ना अशें  पिवपाच्या उदका खात्याचे मंत्री सुभाश फळ देसाय हांणी सांगलें. पर्वरे सचिवालयात घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेत ते उलयताले.गोंयांत सुमार 15 दीस उदकाची उपलब्धताय आसा,

साळावली धरणाक 60 दीस, तिळारी धरणाक 150 दीस, हणजुणे धरणाक 25 दीस आनी पंच/वाडी धरणाक 20 दीस उदकाचो सांठो आसा अशें तांणी सांगलें.

तिरुवरूर भक्त/वतसलंम   हे कर्नाटक संगीतात मृदंग वादनातले एक फामाद भारतीय विद्वान . एकुणीसशे छाप्पनात तामिळनाडूतल्या तिरुवरूर हांगा संगीतकारांच्या एका पारंपरिक कुटुंबात जन्मले भक्त/वतसलंम हांची मृदंग वादनाक वेगवेगळया सांस्कृतिक संगीत समूहांमदी मानाचे स्थान मेळोवन दिवपाक आणि एक प्रभावशाली संगीत गुरू म्हणून वळख आसा. तांच्या ह्याच कार्या खातीर तांका २०२६ वर्साचो भारताचो सर्वोच्च नागरी पुरस्कार पदमश्री फाव जाला byte

गोंय माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक शिक्षण मंडळान बौद्धीक तांक उणी आशिल्ल्या विद्यार्थ्याखातिर 'इयत्ता धावी सम/कक्षता प्रमाणपत्र येवजण लागू केल्या. हे येवजणेक लागून अशा विद्यार्थ्यांक मुखावेले शिक्षण घेवप शक्य जातले, तशेंच तांकां रोजगार वा स्वंयरोजगाराच्यो संदी मेळून ते आर्थीकदृश्ट्या स्वावलंबी जावपाक शकतले.
गोंय बोर्डान दिल्ले माहिती प्रमाण, हे येवजणेची म्हायती ५ फेब्रुवारी २०२६ दिसा अधिकृत राजपत्रांत प्रसिद्ध जाल्या हे म्हत्वाचे येवजणेची माहिती सगळया संबंदीतांक मेळची म्हूण तिनूय जिल्ह्यांनी कार्यावळी आंखल्यात.

हे येवजणेविशीं सविस्तर माहिती दिवपाखातीर आनी जागृताय हाडपाखातीर प्राथमीक, माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक शाळांच्या मुख्याध्यापकांखातीर एका विशेश मार्गदर्शक कार्यावळींचे आयोजन केलां.
सगळया संबंदीत शाळांच्या प्रमुखांनी थारावीक वेळापत्रकाप्रमाण हे कार्यशाळेक हाजीर रावचे, अशी विनवणी गोंय बोर्डाचे सचिव विद्यादत्त नाईक हांणी परिपत्रकावरवीं केल्या. ही कार्यावळ दनपारा ३:३० ते सांजवेळा ५:३० ह्या वेळांत जातलो.

आयतार २१ जून २०२६ दिसा जावपी 'री-नीट' परीक्षे खातीर गोंय सरकार पुराय तरेन सज्ज जालां. दक्षिण गोंयचे जिल्हाधिकारी एग्ना क्लीट्स हांणी परीक्षेच्या तयारीचो नियाळ घेतलो आनी प्रशासनान केल्ल्या व्यवस्थापना विशीं पत्रकारांक म्हायती दिली.

दंब येरादारी म्हामंडळान 21 जून दिसा  नीट परीक्षा दिवपी विद्यार्थ्यां खातीर कदंब बस सेवेची वेवस्था केल्या. पणजी ते कुजीरा-बांबोळी स्कुल कॉम्पलेक्स, पणजी ते केंद्रीय विद्यालय, बांबोळी, पणजी ते आयएनएस मांडवी, बेती वेर, म्हापशें ते सेंट झेव्हियर हायर सेकंडरी, म्हापशे, म्हापशे ते संत सोयरोबानाथ आंबीये सरकारी म्हाविद्यालय पेडणे, साखळी ते सरकारी म्हाविद्यालय, साखळी, मडगांव ते एनआयटी कुंकळ्ळी, फोंडा ते केंद्रीय विद्यालय, फोंडा, वास्को ते केंद्रीय विद्यालय-1 दाबोळी आनी केंद्रीय विद्यालय-2 दाबोळी वास्को अशी बस वेवस्था आसतली.

भागलपूरांत बिहार क्रिकेट असोसिएशनान आयोजीत केल्ल्या बायलांच्या ‘ekonis varsaa सकयल्या  वन डे ट्रॉफी’ सर्तींत 19 वर्सां पिरायेची फलंदाज अक्षरा गुप्तान फक्त 126 बॉलांनी नाबाद 306 धांवड्यो केल्यो.

पणजी वेधशाळेन नोंद केलल्या प्रमाण गोयात किमान तापमान सत्तावीस डिग्री celcius नोंद झाला आनी कमाल तापमान चवतीस  डिग्री celcius नोंद झाला.